Akashvani Panaji

7.1.2025 at 7.25 am

आदिवासी विद्यार्थ्यांखातीर आशिल्ल्या , गगन भरारी शिक्षण येवजण तशेंच गुणवत्ता आधारीत पुरस्कार येवजण ह्या दोनूय येवजण्यांच्या अर्जांची मुजत वाडयल्या. राज्य सरकाराच्या आदिवासी कल्यण विभागान या संबंधीचे परिपत्रक जारी केलां. सगळ्या शाळा मुखेल्यांनी आपल्या विद्यार्थ्यांक ह्या नव्या तारखांची म्हायती दिवंची अशें मांगलां. तारखो अश्यो आसात :
गगन भरारी शिक्षण येवजण तशेंच गुणवत्ता आधारीत पुरस्कार येवजणे खातीर सीएम स्कोलरशिप पोर्टलावरवी अर्ज करपाची निमणी तारीख - १५ जानेवारी २०२५ ; शाळा पांवड्यार अर्ज तपासणेची निमणी तारीख - ३१ जानेवारी २०२५ ; जिल्हो पांवड्यार अर्ज तपासणेची निमणी तारीख - १५ फेब्रुवारी २०२५ अशी आसा. ह्या तारखांनी आनीक मुजत वाड मेळची ना अशें आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक दशरथ रेडकर हांणी कळीत केलां.

गुरवार बायल आनी  नव्या जन्मल्या भुरग्याची  भलायकी सुनिश्चीत करपाक जननी शिशु सुरक्षा कार्यावळ राज्य सरकारान सुरु केल्या. ह्या  उपक्रमा अंतर्गत राज्यातल्या गुरवार बायलांक वेगवेगळ्यो फुकट सेवाचो लाव मेळटलो. गोय सरकाराचे हे पावल सुरक्षित मातृत्व आनी नवजात बाळकाच्या भलाचके खातीर एक म्हत्वाचो उपक्रम आसा . प्रत्येकआवय  आनी भुरग्याक निरोगी जीणेची सुरवात  मेळोवन दिवपाक सरकार गंभीर आसा अशे भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हाणी  स्पष्ट केला. हया उपक्रमाअंतर्गत बायलाक सरकारी हॉस्पीटलांत सगळ्या तरचे बायटीचे  उपचार फुकट दितले. तातूंत  सिझेरीयन शस्त्र क्रिया  लेगीन आसपावता.  तशेच लागपी  वरवदा आनी साहीत्युय  फुकट दीतले.  रक्त तपासणी, मुत तपासणी, सोनोग्राफी अशों गरजेच्यो चाचण्योय हातुंत आसपावतात  बाळंतपणा उपरांत लेगीत बायलांक फुकट सेवा दिवपाचे यत्न सुरु आसात. बायटेरा उपरांत तीन दिस आनी ऑपरेशन बायटेरा  उपरोत सात  दिस फुकट आहार सेवा दितात आनी हॉस्पिटल . ते घरा पावोवपाची प्रवास वेवस्याथाय  होस्पीटल करता.

गोंय विधिकार मंचावतीन ता. 9 जानेवारी 2025 दिसा पर्वरी विधानसभा प्रकल्पात सकाळी 9.30 वरांचेर गोंय विधिकार दीस मनोवपात येतलो.

विधिकार दीस कार्यक्रमात सभापती, मुख्यमंत्री, उपसभापती, विधानसभा वेव्हारमंत्री, विरोधी पक्ष फुडारी आनी मंत्री उलवप करतले. उपरांंत जावपी चर्चासत्र कार्यक्रमात मंत्री, आमदार, खासदार, आदले आमदार, आदले खासदार वाटो घेतले.

विधिकार मंचान सगळें मंत्री, आमदार, खासदार, आदले आमदार, आदले खासदार हांकां कार्यावळींक आमंत्रीत केल्यात.

गोंय सरकाराच्या कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान ता. 13 जानेवारी 2025 दिसा दक्षीण गोंयांत सरकारी आयटीआय, फर्मागुडी फोंडा हांगा प्रधानमंत्री राष्ट्रीय अप्रेंटीसशीप मेळाव्याचें आयोजन केला. अप्रेंटीसशीप मेळाव्यात अनेक भौशीक/खाजगी आस्थापनां सहभागी जावपाची अपेक्षा आसा.

इत्सुक आयटीआय उमेदवार आनी हेर थळाव्या युवकांनी नावनोंदणी आनी आपले करीअर घडोवपाक ह्या भांगरा संदीचो लाव घेवपा खातीर सकाळीं 9.00 वरांचेर मेळाव्याच्या थळार हजर रावचे.

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूर्ण वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हण एक तशेच अनुवादक- खबरावाचक म्हण एक अशा दोन सुवातींचेर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयल्यात. ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकत्र पगार आसतलो . हेर म्हाईती खातीर , अटी आनी तपशिलाखतीर प्रसारभारतीच्या संकेतथळावेलो रिक्त पदांचो घोशणा विभाग पळोवचो

नवी दिल्लीत कर्तव्य पथार 26 जानेवारीक जावपी प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंय राज्याची संस्कृती आनी प्रगतीचेर चित्ररथ प्रदर्शीत करतले. दोन वर्साच्या अंतरा उपरांत केंद्रीय संरक्षण मंत्रालयान प्रजासत्ताक दीस संचलना खातीर गोंयच्या चित्ररथाची निवड केल्या. कर्तव्य पथार 26 जानेवारीक जावपी प्रजासत्ताक दीस संचलना खातीर केंद्रीय संरक्षण मंत्रालयान राज्यां आनी केंद्र शासित प्रदेशासयत 15 चित्ररथांची तशेंच 10 मंत्रालय विभागांच्या चित्ररथांची निवड केल्या. “स्वर्णिम भारत-विरासत आनी विकास” अशी ह्या वर्साची संकल्पना आसा. गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन गोंयच्या चित्ररथाचे प्रदर्शन जातले. ह्या चित्ररथाच्या संकल्पनेतल्यान गोंयची संस्कृती, परंपरा, सैमीक सोबीतकाय आनी विकासाचे दर्शन घडयतले. नवी दिल्लीत गोंयचो चित्ररथ तयार करून प्रदर्शीत करपा खातीर फोंडे वाठारांतले नामनेचे कलाकार सुशांत खेडेकार हांची राज्य सरकारान निवड केल्या. गोंयचो चित्ररथ तयार करपाचे काम नवी दिल्लीत राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात नेटान चालू आसा. “दिवजां” हे चित्ररथाचे एक खाशेले आकर्शण आसतले, जी गोंयची सांस्कृतीक वळख जावन आसा. गोंयच्या संस्कृती आनी परंपरेत मातयेच्या दिवजाक पवित्र आनी धर्मिक म्हत्व आसा. गोंयांत देव-देवतांच्या जात्रां आनी उत्सवांनी नेणार चलयों आनी सुहासिनी बायलों दिवजां अर्पित करून देवदेवतांचो आर्शीवाद घेतात. दिवजांचो लखलखतो उजवाड पवित्र आनी सकारात्मक उर्जा निर्माण करता. गोंयच्या चित्ररथा वरवीं गोंयच्या कावी कलेचेय दर्शन घडोवपात येतले. गोंयांत पुराण काळासावन कावी कला प्रचलीत आसा. लाल रंगातली कावी कला खास करून देवळांनी पळोवक मेळटा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आपल्या मन की बात कार्यक्रमातल्यान गोंयच्या कावी कलेची तोखणाय केल्या. गोंय हे संवसारांतल्या पर्यटकांचे आकर्शण आसून चित्ररथा वरवीं दर्यावेळो, उदका खेळ, आग्वादचे दीपगृहाचेय दर्शन घडयतले.